म्हजी बा खैं गेली?

- शणै गोंयबाब

कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान
विश्व कोंकणी केंद्र, मंगळूर

म्हजी बा खैं गेली ?

शेणै गोंयबाब

माघांतले देवतेचे पंचमीन बाबुल्याक पांच वर्सां भर जावन सवें वर्स लागिल्लें. तो इल्लोसो भुरगो खरो; पणून मोटो बंट. मोटो अवजाळी. मोटो आडांगी. तो निक्तोच सटकुळ्ळेलो आनी आपल्या धुमशेणांनीं आनी धुडबुसांनीं सगळें घर माथ्यार घेतालो.

शापशेणैल्या घरांत जायत्या काळान, ना ना म्हणून कान-दोळे सुजौन, आंगवणी-जोगाणी करून, सड्यार सुंट फुलता म्हण्टात ते भाशेन, तें एकलेंचे चल्यामनशाचें भुरगें जाल्लें. नातू जाला म्हणपाची खबर वैजिणीन पैलीवैलीच शणैच्या कानार घालून आल्विस मागलें तेन्ना तो कितलोसो भुरकटलो आनी मुरगटलो खैं. ताणे सटकरून आपल्या आंगावैलें नवेंताल अष्टीदेगेचें पुडवें काडून 'हें घे आल्विस' म्हणून वैजिणीच्या आंगार उडैलें आनी त्याभायर कातलेचो कुडको कसोसो सणसणीत बरो सुब्रो काडून तिच्या हातार दवल्लो खैं.

नातवाचे खुशालेन ताणें फार-पेट जायतो करूंक लायलो आनी बाजार्भर साकर वांटली. वाजती सटी जाल्यार मोटे नामनेची जाली. घुमटा, म्हादळीं आनी समेळ हांचो सगळि रात जो तडाक उठलो तो सांगून उपकारना. झळकें जाल्यार घे म्हणून राशीनीं! नातू जाला म्हणून शापशेणै आनी उमाबाय ह्या संवसारांत नासलीं. बाबुल्याफुडें तांकां खाण-जेवण कांयच रुचनासलें. आड-वर बाबुलो, बाबुलो. बाबुल्याक कितें जाय, कितें नाका हे घोंकणेफुडें तांकां दुसरें कसलेंच काम येवजनासलें. होनीबाय केन्नाय बाबुल्याक घेवन कुळारा गेली जाल्यार, आपौण्यार आपौणो धाडून, तिका एकफावट घरा हाडीसर तांकां थार जायनासलो.

बाबुल्याक सर्वे वर्स लागूंक, होनीबायक अनर्थाचें वायट जालें. वैजांचे म्हणणेभाशेन तिका वायदमन जाले खैं; आनी तांतूंतूच ती भायर पडली. बुद्द आइल्ल्या भुरग्यांची आवै सट करून मरची म्हळयार केदें व्हडलें अरिष्ट! अपुर्बायेंत वाडिल्ल्या नाजूक बाबुल्याचेर तें कोंसळ्ळें तेन्ना तो सामकोच बाबडो जालो. ताची मस्ती जिल्ली. ताचीं हडवंगां उल्ली. ताचें अवजाळीपण, ताचें आडांगीपण, ताचीं धुमशेणां, ताचीं धुडबुसां खैंचे खैं नाच जाली. तो उतार पिरायेच्या, पिकिल्ल्या मेंदुच्या म्हातारखंडाभाशेन खंती आनी कष्टी जावन येवजणेंत पडलो.

आवय वायटांत पडून मादान जावन कितेचें कितें बडबडूंक लागली तेन्ना, बाबुलो एकाद्रो भियेवन आंग काडीत म्हणून, आजो आनी आजी ताका तिचे कुडिच्या दाराकडेन वचूंक दीना जालीं. तरी आसताना, केन्नाच दोळ्यार हात काडून, तो थैं वचून 'बा बा' म्हणून तिका ल्हवूच उलो मारतालो. अखेरेक एक दीस म्हद्याने रातीर ती भायर पडली. त्या वेळार, बाबुलो आजयेच्या हांतरूणार हुस्क्यामेकळो सुस्त न्हिदिल्लो. तो बोवाळांत आनी करांदायेंत जाग़ो जायत म्हणून, आजयेन ताका बेगोबेग थैंसून आळंग उखलून, दुसरे एके कुडींत न्हिदैलो आनी सकाळ जावन घरांतले प्रेत भायर कडीसर, ताका तांतूंतली कसलीच सुनशा लागूंक दिली ना.

होनीबायसारकी गुणेस्त सूनबाय होगडावली म्हणून मांवा-मांयचे दोळे भौनभौन दुखांनी भरून येताले. तरी आसताना, बाबुल्याक आवैची खबर कळत म्हणून, तीं आपलीं दुखां भितल्लेभितर दांबून धरतालीं. आवैचे कुडीलागसार ताणें वच्चें न्हय म्हणून, आजयेन ताका कितलोसो थातारून धल्लो; परंत ल्हवूच तिची नदर चुकौन तो थैं गेलो आनी पळेता जाल्यार भितर ताची बा ना. तिचें हांतरूण ना. पांगरूण ना. कांय ना कांय ना. कूड सामकी खांवक आयली. ताणें काचाबूल जावन, आज्याक आनी आजयेक उलो मारून विचाल्लें. "म्हजी बा खैं गेली?"

त्यावेळार रड्याचो हुडको सांवरना जावन, उमाबायन ताका पोटासरीं धरून रडत रडत म्हळ्ळें, 'म्हज्या राया, तुजी बा रातीं देवागेर गेलीरे सायबा!' बाबुल्याक ह्या उतरांचो अर्थ समजना जालो. ताणें म्हळें, 'मामागेली दोळी येता तशी देवागेली दोळी आइल्ली म्हाका दिसली ना. ती कित्यांत बसून गेली? आनी एकलीच कशी गेली? म्हाका कसो व्हेलो ना?' हीं उतरां आयकनाफुडें, आज्या-आजयेचीं आनी घरांतल्या सगळ्या मनशांचीं काळ्जां चर्र जालीं. तेन्ना बाबुलो अदीकूच काचाबूल जालो. बाकिचीं रड्टात म्हणून तोय रडूंक लागलो. आजयेन ताका पोटाकडेन गच्च आंवुळ्ळो आनी म्हळ्ळे, 'थु-थु-थुमेकाल! तशें म्हणचें न्हयरे म्हज्या राया! म्हगेल्या घरादाराचो घणघणीत लामणदिवो तो! वडाच्या रुखा भाशेन तूं जायतीं वर्सां वांच आनी तुजो वेलविस्तार जायतो जांव!."

बाबुलो सामकोच गदळांत पडलो. तो भौनभौन आवैचे कुडीसरीं येरादारी घालून ती खैं पावली आनी तिचें कितें जालें म्हणपाचे येवजूंक लागलो. निमाणें बारव्याक, ताचे आवैच्या नांवान सवाश्णीक जेन्ना तिचे कापड, खण आनी तांबयो दिंवक काडलो तेन्ना ताणे रडून मोटो आकांत केलो. ताणें आजयेक विचाल्लें, 'आजये, म्हजी बा देवागेरसून पर्थून येतकूच तिका न्हेसूंक कापड नाका गे? आनी उदाक पियेंवक तांबयो नाका गे?' हीं उतरां आयकनाफुडें आजयेच्या, सवाश्णीच्या आनी लागसर आशिल्या सगळ्या मनशांच्या दोळ्यांतसून सळसळीत दुखां व्हांवलीं. बाबुल्याक तें अजाप जालें. बाचें नांव काडिल्ले कणकणीं घरचीं आनी भायलीं मनशां रडूंक लागतात ते कितें तेंच ताका समजना जालें. ताची बा ताका घेवन आजवेळा वेताली तेन्ना कोणूच रडनासलें आनी आतां पळेल्यार, ती देवागेर गेल्या म्हणून सगळीं जाणां भौनभौन रड्टात हाचो अर्थ ताका समजना जालो.

बारावो जाल्या उप्रांत, देवागेरसून बा येतली म्हणून बाबुल्यान जायती वाट पळेली. बाजारांत कोणायची दोळी दिष्टी पडल्यार, भितर आपली बाच बसून आयल्या म्हणपाच्या समजान तो बेगोबेग धांवत वचून चौकशी करतालो आनी निर्णल्ल्यावरी जावन घरा येतालो. निमाणें, सुमार तीन म्हैने फाटीं पट्टकूच, ताणें एकदीस आजयेक म्हळें, 'आजये, बाक हाडूंक तूं दोळी कित्याक धाडीना गे? ती गेल्यार खूब दीस जाले.' आजयेन पदरान दोळे पुशीन म्हळें, 'आसूं, भंगूं रे ती खबर. तूं त्या माणकूवांगडा आखोमाखोनीं खेळूंक वच पळौंया.' आवै मरतपासून बाबुल्यान खेळबीळ सगळो सोडिल्लो. ताका एकासारको बाचो ध्यास्त लागिल्लो. ताणें म्हळें, 'आजये, म्हाका खेळनशें दिस्ना गे. म्हाका बाक पळेनशें जाला' हाचेर उमाबायन वैतागून म्हळें, ' तर हांवूच पुता एक दीस दोळ्येंत बसून तिका हाडूंक वचन. म्हाकाय दिसानदीस संवसाराची उबगण आयल्या.' बाबुल्यान म्हळें, 'तूं गेल्यार म्हजेसरीं कोण तर? तूं नाका गे वचूं. रागल्याक आनी सकल्याक दोळी दीवन धाडल्यार पुरो. ते बाक घेवन येतले.' हाचेर जाप कितें दिवची तीच उमाबायक येवजना जाली. ती बाबुल्याचें मन विसरायेर घालूंक लागली. परंत कित्याक उपकारना जालें. तो दोळी धाडचेखातीर सूंट कसोसो तिचे फाटीक लागलो. निमाणें, तिणें मोटो धीर करून सरांटल्ल्या ताळ्यान म्हळें, ' बाबुल्या, देवागेर गेल्लीं मनशां पर्थून येनातरे म्हजा राया!' बाबुल्यान म्हळें, 'तर तुवें म्हजे बाक थैं कित्याक वचूंक दिली? देवागेली दोळी कित्याक पर्थायली ना? म्हाका तुवें हें आदींच कळैल्लें जाल्यार, हांव तिगेले कुडिचें दार आडावन तिका भायर सरूंकूच दिंवचो नासलों. हांव तिच्या पांयांक गच्च वेंग मारतलों आसलों.' हीं उतरां आयकून, उमाबाय ल्हान भुरग्याभाशेन भळाभळा रडूंक लागली. तेन्ना बाबुल्यान तिका म्हळें

'आजये, हालीं हांव उलैन त्या उतराक तुं भौनभौन कित्याक गे रट्टा? म्हाका सारकें बरें सांग. बा केन्नाच येंवची ना? म्हाका आतां बा नाच? असल्या कसल्या कामाक ती देवागेर गेल्या?' उमाबायक ताचो समज घालूंक येना जालो. तिणें दोळ्यांतलीं दुखां पुसून म्हळें, 'म्हज्या शाणुल्या, आसूंत त्यो खबरी आतां' म्हण्टकूच बाबुलो हटाक पेटून म्हणूंक लागलो, ' हांव ना हांव ना. म्हजी बा म्हाका जायच. आत्तां हांव देवाचे कुडींत वेतां आनी ताका विचारतां म्हजी बा कित्याक व्हेल्या ती आनी खैं दवल्ल्या ती. देवार्यांत आसा तोच मु गे तो देव?'

बाबुलो थैंसून तरतरीत देवार्यासरीं गेलो आनी जाण्ट्यानीं लाइल्ले देखीभाशेन, आदीं दोनूय पोलो फोडून घेवन देवाक ताणें शेकानशेक नमस्कार घालो. तितले म्हणसर, ताची आजी बेगोबेग ताचे फाटसून येवन, तो कितें करता तें पळौंक, देवाचे कुडी भायलेवशीन उबी रावली. बाबुलो उठलो आनी नाखार बोट धरून, दांत-ओंठ चाबून देवाक तिडकीन म्हणूंक लागलो, 'देवा सायबा, तुवें म्हजे बाक व्हेल्यार खूब दीस जाले. तुवें तिका कित्याक व्हेली? आनी म्हाका कळैनासताना कशी व्हेली? म्हाका ती जाय म्हणून तूं नकळ आसलो? तुका दुसरीं कोण मनशां मेळना जालीं? तूं आज सांजे, तिका तिचे कुडींत ती न्हिदिल्ली थैं बर्यान हाडून दवर. नाजाल्यार, फाल्यां सकाळीं तुका दाखैता कशें आसा तें. हांव आज्याक सांगतलों तुजी पुजा करूंक नाका म्हणून. मागीर तुका पळे, न्हाण ना, घोण ना. फुलाची पाखळी ना. दिवो ना. वात ना. कातलेचो शिर्णी ना. गोडाचो कुडको ना. साकरेची चिमटी ना. कांय ना. कांय ना. तुका उपाशीं वळवळांवक लायतलों'

नातू देवाकडेन झगट्टा तें पळौन उमाबायक खिणभर कौतुक दिसलें आनी रडूंकय आयलें. ती ताका आपली जाग दाखैनासताना ल्हवूच थैंसून गेली. उप्रांत देवाक आपणें दटायलो म्हण्टकूच, बाक कुडींत

हाडून दवल्ल्याबगर तो रावचो ना म्हणपाच्या समजान बाबुल्यान तो सगळो दीस उमेदीन घालैलो. रोखडीच रात जाली आनी तो सुस्त बरो न्हिदलो. दुसरे दिसा, उजवाडनाफुडें बा दिष्टी पट्टली म्हणपाचे आस्तेन, तो बेगाबेग कुडींत गेलो आनी पळेता जाल्यार थैं जितो मूस ना. तो निर्शेलो. ताका रागाचो किंवाटो आयलो. तो तसोच आजयेसरीं वचून तिका म्हणूंक लागलो, ' आजये, असलो कसलो तो देव? ताका काल हावें कितलोसो भेष्टायलो तरी ताका पर्वाच ना. ताका इल्लीय लज आशिल्ली जाल्यार ताणें म्हजे बाक हांगा हाडून पावती करची न्हय? आतां कितें करचें गे? तो देव तर आयकना. म्हजी बा म्हाका जायच.' तो हात-पांय बडौन 'बा गे म्हजे! बा गे म्हजे' म्हणून मोट्यान होळम काडून रडूंक लागलो. तेन्ना आजयेन ताका लागीं ओडून म्हळें, 'अशीं पिशेपणां करची न्हयत रे म्हज्या गुण्या! देवागेर गेल्लीं मनशां पर्थून येनात रे म्हज्या शाण्या! बाबुल्यान म्हळें, पणून देवान म्हाका तशें सांगचें न्हय? काल ताका हांव खूब उलैलो तेन्ना 'तुजी बा तुका मेळची ना' अशें सडसडीत सांगूंक ताका कितें जाल्लें? तो वोगी कित्याक रावलो?' आजयेन म्हळें, 'म्हनशांकडेन देव उलैना रे म्हज्या राया!' बाबुल्यान म्हळें, मनशांकडेन उलैना जाल्यार तो तांकां आपणासरीं व्हरता तरी कसल्या कामाक? म्हजे बाकडेनूय तो उलैना तर?" आजयेच्यान ताची समजाविशी करूं नज जाली. निमाणें ताणें म्हळेम. 'देव उलौं, ना जाल्यार ना उलौं. म्हजी बा म्हाका जायच. ती देवाक मेळची ना. ती म्हजेसरीं येना जाल्यार हांव तिचेसरीं वेतलों' हे भाशेन, बाबुल्यान एकासारको आवैचो ध्यास्त धल्लो. तो जेविना जालो, खायना जालो. ताणें आंग सोडलें. सुकून सुकून ताचो सामको व्हीर जालो. तो हांतरूणाक लागलो. आनी आखेरेक 'म्हजी बा! म्हजी बा!' म्हणून ताणें प्राण सोडलो.

बाबुल्याची ही खबर आयकून कोणा मनशाचें काळीज उचंबळचे ना? आनी ताच्या दोळ्यांतसून दुखांच्यो झरी व्हांवच्यो नात? 'ती म्हजेसरीं येना जाल्यार हांव तिचेसरीं वेतलो!' केद्या निग्रहाचीं उतरां हीं! बाबुल्यान तीं आखेरेक खरीं करून दाखैलीं अशेंच म्हणूंक जाय. 'यं यं वापि स्मरन्भावं त्यजत्यंते कलेवरम. तं तमेवैति कौंतेय सदा तदभावभावित:' ह्या शिळोकांत, 'सदीं उठून तेच ते भावनेंत गुल्ल जावन, निमाणें तिच्याच उगडासान जो आपणालें कळिंवर सोट्टा तो तिकाच वचून मेळटा' अशें भगवंतान एक फावट अर्जुनाक सांगूंक ना व्हय? ह्याच आधारार आमचो माणकुलो बाबुलो, आपली अपुर्बायेची बा जैं गेल्ली थैं वचून, खोसायेन तिचे हांण्डीर बसलो हांतूंत दुभाव ना.

बंट = naughty
अवजाळी = disobedient
आडांगी = mischievous
सटकुळ्ळेलो = weak
धुमशेणांनीं धुडबुसांनीं = pranks
आल्विस = gift
भुरकटलो = filled with glee
मुरगटलो = felt ecstatic
सुब्रो = Coin; Money
वाजती = fanfair
घोंकणे = mugging up
वायदमन = pneumonia
भायर पडप = die
बाबडो = helpless
बोवाळ = hue and cry
भौनभौन =
काचाबूल = nervous; worried
वेलविस्तार = spread of tribe; to prosper
गदळ = confusion
येरादारी = traffic; transport
आकांत = disturbance
जाण्ट्यानीं = by elders
पोलो = cheek
शेकानशेक = all along; long
दटायलो = to scold
रोखडीच = quickly
निर्शेलो = saddened
किंवाटो = anger; fury; rage
होळम = loud cry; wail
निमाणें = in the end
उचंबळ = agitated; be stirred